**स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाखाला घराच्या पुर्नबांदणीखातीर बुन्याद**

ता. 29 ऑक्टोबर 2021

सरकारान सुरू केल्ल्या आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाखाला अस्नोडा ग्रामपंचायत वाठारांत अनेक कल्याणकारी प्रकल्प आनी येवजणांची अंमलबजावणी केल्या. आयज अस्नोडा हांगा थिवीचे आमदार श्री. निळकंठ हळर्णकर हांच्या हस्तुकीं श्रीमती जयंती सातार्डेकर हांच्या घराच्या पुर्नबांदणीखातीर बुन्यादी फातर बसयलो. म्हापसा रॉटरी क्लबाच्या मजतीन श्रीमती जयंती सातार्डेकर हांच्या घराचे पुर्नबांदकाम करपात येतले.

जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती दिक्षा कांदोळकर, पंच वांगडी श्रीमती सपना मापारी, श्रीमती सलोनी पेडणेकर, स्वयंपूर्ण मित्र श्रीमती ईशा सावंत ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ली.

ह्या वेळार उलयताना श्री. निळकंठ हळर्णकर हांणी अस्नोडा ग्रामपंचायत वाठारांत स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाखाला अनेक कल्याणकारी प्रकल्प आनी येवजणांची अंमलबजावणी करून गरजू लोकांक मजत केल्लेखातीर स्वयंपूर्ण मित्र आनी हेर अधिकाऱ्यांच्या प्रयत्नांची तोखणायकेली. श्री. हळर्णकर हांणी गांवच्या लोकांक सरकारी कल्याणकारी येवजणांचो लाव घेवपाचोय उलो मारलो.

ह्या वेळार श्री. हळर्णकर हांचे हस्तुकीं बायलांच्या आप मजत गटांक पीठ मळपाचे आनी पॅकिंग करपाचे मशीन भेटयले. तशेंच जाण्ट्यांक वक्लां भेटयलीं.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/907

Issued by Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji